## भुरग्यांचे भविष्य घडोवपात शिक्षकांची म्हत्त्वाची भूमिका – मुख्यमंत्री

६ डिसेंबर २०२१

भुरग्यांचे भविष्य घडोवपात शिक्षकांची भूमिका म्हत्त्वाची आसता, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. तांणी सांगलें, सरकार विद्यार्थ्यांखातीर विंगड विंगड येवजणो आनी सुविधा उपलब्ध करून दिता. अशां सगळ्यां सरकारी येवजणांचो लाव विद्यार्थ्यांक मेळोवन दिवपाखातीर शिक्षकांनी फुडाकार घेवपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.

कोडिंग आनी रोबोटिक्स एज्युकेशन येवजणेचो एक भाग म्हुण प्रोजेक्ट मॅनेजमेंट युनिट (PMU) हांचे वतीन आयज सेमिनार हॉल, सचिवालय पर्वरी हांगा आयोजीत कार्यक्रमात कोडिंगचो वापर करून आकाश कंदील आनी लोगो डिझायनिंग करपाच्या सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटोवपाच्या मुख्यमंत्री मुखेल सोयरे उलयताले.

विद्यार्थ्यांक अशां सर्तींनी भाग घेवपा खातीर शिक्षकांनी प्रोत्साहन दिवपाक जाय. विद्यार्थ्यांचे योग्य तरेन समुपदेशन करपाची आनी येवजणांविशीं जागरूकताय करपा खातीर शिक्षकांनी निर्णायक भूमिका बजावपाक जाय, अशेंय तांणी सांगलें.

सरकारान शाळांनी 6 वी सावन कोडिंग आनी रोबोटिक्स शिक्षण सुरू केल्ले आसून आतामेरेन लागी लागी 435 शाळा आनी 65 हजार विद्यार्थी ह्या उपक्रमात सहभागी जाल्ले आसात. PMU न 'कोडिंग आनी रोबोटिक्स शिक्षणाखातीर YouTube चॅनल उपलब्ध केला. ह्या चॅनेलाचे 100 परस चड व्हिडिओ आसात, अशीय म्हायती तांणी दिली.

ह्यावेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं कोडिंग आकारांचो वापर करून आकाश कंदील आनी लोगो डिझायनिंग करपाच्या सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1015

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji